Panaji Regional 19th August 2025 7.25am

महेश 70

राज्य सरकारतर्फे चालिक लायील्लो म्हजे घर कायदो येत्या सप्टेंबर महिन्या सावन लागू जातलो. 1972 वर्सां आदलीं घरा कायदेशीर करपाक आनी त्या उप्रांतची लेगीत आपल्या जम्निचेर बांदिल्ली जांची घरा आसात त्या खातीर लोकांनी आपल्या घरांची कागदपत्रा तयार करून सादर करची. गोयातल्या लोकांच्या घरांक संरक्षण दिवपाक हो कायदो चालिक लायला आणि गोयकारांच्या घरांचो फुडार सुरक्षित दवरपाक हो कायदो आसा अशे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले. पाळी पंचायत इमारतीच्या बुनियादी फातोर बसोवपाच्या सुवाळ्यांत मुखेलमंत्री उलयताले.

Byte cm

---

रश्मी 90

निर्मात्यांचेर कसलोच भार लादनासतना कोंकणी आनी मराठी फिल्मां पुनर्संचयित गोंय मनरिजवण संस्था करतली अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सवंत हांणी केल्या. गोंयच्या सिनेमाचो प्रेक्षक वर्ग खुप आसा. गोंयचे सिनेमांक 15 लाख गोंयकारां परस व्हड प्रेक्षक आसा, कर्नाटक, महाराष्ट्र, आनी दुबय, लंडन आदी परदेशांतल्या सुवातांनी सुमार 2 कोटी प्रेक्षकां मेरेन पावता अशें मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

तंत्रीक प्रस्नांक लागून बंद जाल्ली फिल्म फायनान्स येवजण बेगीनूच सुदारून परतून सुरू जातली अशें मुखेलमंत्र्यान म्हळा. जाल्यार अ, ब आनी क वर्गांतल्या चित्रपटांक अनुक्रमान ₹50 लाख, ₹30 लाख आनी ₹10 लाख अर्थीक मजत प्रस्तावीत केल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिली.

------------------------------------------------

सुशांत 125

मडगावात जर वेपाऱ्यांनी परवानगी दिली तर तांच्या खातीर गोंयांतले सगल्यात सुंदर आनी अत्याधूनिक सोयी आशिल्ले अल्ट्रा मॉडर्न मार्केट बांदपाची सरकारची तयारी आसा अशें मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी सांगला

मडगावच्या न्यू मार्केटात ७० लाख रुपया खर्चुन दोन इमारतींचेर नवी पाश्टां घाल्यात. ताचे उक्तावण केले उपरांत कामत  उलयताले. मडगावच्या पिंपळापेड वाठाराचे सोबीतीकरण करपाची येवजण  आशिल्ल्याचे जाहीर करुन थंय आशिल्ले पोन्ने पेव्हर्स काडून नवे पेव्हर्स बसयतले. तशेच न्यू मार्केटच्या नव्या कामाखातीर देड कोटी  रुपयांची निविदा जाहीर केल्या आनी पावसा उपरांत ह्या कामाक सुरुवात जातली अशी म्हायती आमदार कामत हांणी दिली. ७० ते ७५ लाख रुपया खर्चून मडगावच्या गांधी मार्केटाचे काम हातात घेतले अशें तांणी सांगलें. ह्या वेळार मडगावचे नगराध्यक्ष दामोदर शिरोडकार, बाजार समितीची अध्यक्ष दीपाली सावळ, न्यू मार्केट संघटनेचे अध्यक्ष गोपाळ नायक आनी हेर वेपारी हाजीर आशिल्ले.

DIP –  70

बायलां आनी भुरगीं उदरगत  संचालनालयान बाल न्याय निधी नियम, 2023 च्या नेम ३ (ब) अंतर्गत बाल न्याय (भुरग्यांची जतनाय आनी संरक्षण) कायदो, 2015 अंतर्गत एक उपक्रम म्हणून बँक खातें उघडला.

व्यक्तीं, संस्थां आनी  कॉर्पोरेट संस्थां आपल्या कॉर्पोरेट सोशल रिस्पॉन्सिबिलिटी (CSR) उपक्रमांचो भाग म्हणून ह्या निधी खातीर देणग्यों आनी योगदान दिवपाक शकतात. गोंय बाल न्याय निधी नियम, 2023 नेम  3 (b) त नमूद केल्ले प्रमाण बाल कल्याण उपक्रमां खातीर मजत करप हो ह्या निधीचो उद्देश आसा.

Weather – 70

सोमारा गोंयांत मध्यम ते उटंगाराच्या पावसाची नोंद जाली. दनपार उपरांत पावसाचो नेट उणो जालो तरी पावस पडत आशिल्लो. हवामान खात्यान १९ ते २२ ऑगस्ट मेरेन मध्यम  स्वरूपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. खात्यान 23 आनी 24 ऑगस्ट दिसा किरकोळ पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 28 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 24 degrees celcius इतले आसतले. फुडले 5 दीस गोंयचें चडांत चड तापमान 28 degrees celcius जाल्यार उण्यांत उणें तापमान 24 degrees celcius आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

Sports –30

मिरामरच्या व्ही एम साळगांवकार कायदो म्हाविद्यालय आनी मडगांवच्या दामोदर म्हाविद्यालय हांकां गोंय विद्यापिठान आयोजीत केल्ले आंतर म्हाविद्यालयीन ज्युडो सर्तींत सांघीक वस्तादपण फावो जालें. सर्तीचें आयोजन गोंय विद्यापिठाच्या ज्युबिली हॉलांत केल्लें.